**18 .11.2025** **7.20PM**

**160 राज्यपाल**

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू आनी श्रीमती सुनीला राजू हांणी आयज वेरे हांगाच्या भारतीय नौदळाच्या आय एन एस हंसा तळाक भेट दिली. फोगाचे अधिकारी रिअर एडमिरल अजय थिओफिलस आनी हेर अधिकाऱ्यांनी राज्यपालाक तळाचेर उपचारीक येवकार दिलो. ह्या भेटीवेळार राज्यपाल आनी हांका अस्तंत समुद्र तटावयल्या नौदळाच्या उपक्रमांक आदार करपा खातीर आय एन एस हंसाच्या ऑपरेशनल क्षमता, धोरणात्मक म्हत्त्व हेर मुखेल कार्यांची म्हायती करून दिली. सागरी सुरक्षा, दर्यादेग देखरेख आनी मानवतावादी मदत कार्यांत नौदळाच्या भूमिकेचीय म्हायती राज्यपालाक करून दिली.राज्यपाल हांणी नौदळाच्या विमानांचे निरीक्षण केले. विमान उड्डाण, विमान कर्मचाऱ्यांचे समन्वय आनी ऑपरेशनल सुरक्षितता हाची म्हायती करून घेतली. राज्यपालान नौदळाच्या वैमानिकांनी दाखयिल्ले कौशल्य, वेवसायिकता आनी अचूकतायेची तोखणाय केली.राज्यपाल आनी श्रीमती सुनीला राजू हांणी आयएनएस हंसाचे अधिकारी, विमानचालक आनी कर्मचाऱ्यांकडेन संवाद साधलो आनी देशाच्या सागरी संरक्षणातले तांचे समर्पण, शिस्त आनी योगदानाची प्रशंसा केली. तशेंच तळावयल्या आधुनिक पायाभूत सुविधा आनी उच्च दर्जाच्या तयारीची लेगीत तोखणाय केली.राज्यपालान विमान हँगर्स, हवाई वाहतूक नियंत्रण प्रणाली आनी प्रशिक्षण युनिट्स, आनी ऑपरेशनल सुविधांक भेट दिली आनी नौदळ अधिकाऱ्यां कडल्यान सविस्तर माहिती घेतली.

हवामान बदला खातीर राज्य गव्हर्निंग काउन्सिलाची (जीसी) पयली बसका आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज जाली.ह्या बसकेत हवामान बदलाच्या फांटभुयेर उपाय येवजणेवीशी road map करपाचो निर्णय जाला., तातूंत उपाय येवजण्यो आनी टिकावू उदरगतीच्या ध्येयांचो आस्पाव आसा. हवामान बदला खातीर राज्य कृती आराखडो चालीक लावप आनी हवामान आनी पर्यावरणपुरक प्रकल्पाक मान्यताय दिवप हांचो आस्पाव आसा. आमच्या पर्यावरणाची राखण करपा खातीर आनी गोंय पर्यावरणपुरक शाश्वत उदरगतीच्या नदरेतल्यान राज्य सरकारान महत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोय राज्य पर्यावरणपुरक करपाच्या फुडाराखातीर वेगवेगळ्या

खात्यां मदीं घटमूट समन्वय आनी समाजांतचो सक्रिय सहभाग महत्वाचो आसा अशे तांणी म्हणला.

100

गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळाची 45वे मंडळ बसका आयज पर्वरी मंत्रालयात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायखाला जाली. जैव विविधताय वेवस्थापन समित्यो घटमूट करप, गोंय राज्य जैव विविधताय संवर्धन पुरस्कार 2025, आनी जैव विविधताय दायज स्थळांचेर प्रगती हांचेर ह्या बसकेत मुखेल चर्चा जाली. गोंय राज्य जैव विविधताय रणनीती आनी कृती येवजण मान्य जाली, प्रभावी अंमलबजावणी करपा खातीर आमदार आनी अध्यक्षां कडेन सल्लो घेतले तशेंच scientific road map तयार करून संवर्धनाक आदार दियत ओलसाणीच्या वाठारांतल्या जमनीचेर जतनाय घेवपाखातीर खाशेल्या एजन्सींचें ऑनबोर्डिंग मंजूर केला. समन्वयात्मक कृती आनी समाजाच्या सहभागान आपले गिरेस्त सैमीक दायजाची राखण करपाक गोंय कटिबद्ध आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

120 मीठाच्याआगर

मीठाच्याआगराच्या संवर्धनाच्या फांटभुयेर आयज खाशेल्या कार्य समितीची मंत्रालयात पयली बसका जाली. पय. गोंय सरकाराक “मीठार संवर्धन” - मीठ पान संवर्धन, आदार आनी पुनरुज्जीवना खातीर एक समर्पीत येवजण सुरू करपाचो निर्णय ह्या बसकेत जाला. पारंपारीक मीठागराचो वेवसाय परतून हाडप, मीठागराच्या मालकांक अर्थीक मजत दिवप, गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक आनी शेतकी दायजाची राखण करप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा. आमच्या मीठाच्या आगरा करपी शेतकारांक पुराय आदार दिवपाक आनी हो पारंपारीक उद्देग तिगोवन दवरपाक सरकारान ही येवजण चालीक लायल्या. मिठागराच्या वेवसायात आशील्ल्या जाळवणदारांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे आवाहन ह्या बसकेदरम्यान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.आयज गोवन ह्या ब्रेण्डाच्या कार्यपद्धतीचो नियाळ लेगीत मुखेलमंत्र्यान घेतला.गोवन ह्या ब्रेड्णाडावरवी गोंयचे पारंपारीक खाणाचे जिन्नस,वस्तु,पिकावळ गोंय सरकार माची दीता.हातुल्यान गिवगिऱ्या वाठारातल्या मनशांक खुपश्यो रोजगाराच्यो संद तयार जाला

**जिल्लो पंचायत**

जिल्लो पंचायत वेंचणूक फुडें धुकलपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ती आतां 13 च्या जाग्यार 20 डिसेंबराक जातली. हे विशींचो आदेश पंचायत सचिवांनी जारी केला. मजगतीं, मुंबय उच्च न्यायालयांत आरक्षणाक आव्हान दिवपी याचिकेचेर फुडली सुनावणी २५ नोव्हेंबराक जातलीे. राज्य वेंचणूक आयोगान जिल्लो पंचायत वेंचणुकेच्या आरक्षणाची अधिसुचवणी जारी केल्या. हे अधिसुचवणे गोंयच्या मुंबय उच्च न्यायालयांत आव्हान दिलें. ही याचिका सुनावणेक येवचे पयलींच सरकारान जिल्लो पंचायत वेंचणूक एका सप्तकान मुखार धुकलपाचो आदेश जारी केलो. सुनावणे वेळार सरकार आनी राज्य वेंचणूक आयोगान प्रतिज्ञापत्र सादर करपा खातीर वेळ मागलो. हाका लागून आता 25 नोव्हेंबरा उपरांत वेंचणुकेची अधिसूचोवणी जारी जातली.

दीव्यांग

गोंय सरकारान दीव्यांग व्यक्तींखातीर नवी खाशेली अर्थिक आदार अपंगत्व येवजण सुरू केल्या. चड अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक ₹40,000 इतकी एकरकमी मजत ह्या येवजणेवरवी दीतले अशी म्हायती दीव्यांग खात्याचे मंत्री सुभाश फळ देसाय हांणी दील्या. ह्या येवजणेवरवी दीव्यांग व्यक्तींक लागपी तंत्रज्ञान आनी साधनां, वैयक्तीक काळजी मदत, आनी शिक्षणीक प्रशिक्षण वा आदार सेवां खातीर घेवपाची तजवीज आसा.आयज मंत्रालयात जाल्ल्या लाँचिंग कार्यावळींत जायत्या लावार्थ्यांक ह्या येवजणेचे लावार्थ्यांक वाटप पत्रा दीली. पात्र अर्जदार अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्या वरवीं (डीईपीडब्ल्यूडी) अर्ज करूंक शकतात अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.

संघाचे म्हालगडे फुडारी

मडगाव: राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे गोंयचे म्हालगडे कार्यकर्ते आनी मडगावचे नामनेचे वेपारी प्रकाश कवळेकार हांकां काल राती जाण्टेपणाक लागून दुखेस्त मरण आयले. तांची पिराय ८३ वर्सां आसली. आज मडगावच्या कुडीचेर निमणे

संस्कार जाले

केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत, भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, आरएसएसचे आदले गोंयचे अध्यक्ष सुभाष वेलिंगकार, हेर आरएसएस कार्यकर्ते आनी वेगवेगळ्या मळांवयले लोक आयज तांच्या निमण्या भेटीखातीर हाजीर आशिल्ले.

कवळेकार हांणी गाेंयांत संघाचो विस्तार जावचो हे खातीर काम केल्ले. आणिबाणीच्यावेळार संघान केल्ल्या आंदाेलनात ते सक्रीय वांटेकार आशिल्ले ते खातीर तांकां मिसा कायद्याखाला अटक करुन बंदखणीत घाल्ले. तांच्या मरणाचेर जायत्या जाणांनी दु:ख उक्तायला.

<u>110 डॉ. चेतनसिंग</u>

हवामान बदल आडवप खातीर राष्ट्रीय आणि आंतरराष्ट्रीय कायद्यांची गरज आसाच पूण त्याचबराबर प्रत्येकान आपले जगणे पर्यावरण स्नेही करूंक जाय अशें प्रतिपादन मिशन लाइफ चळवळ पुढे व्हरपी डॉ. चेतनसिंग सोळंकी हांणी केले. आयआयटी मुंबईची नोकरी सोडून डॉक्टर चेतनसिंग सोळंकी पर्यावरणाखातीर आनी हवामान बदल आडावपा खातीर काम करतात. ते आयज गोवा राज्यातल्या उच्च माध्यमिक प्राचार्या मुखार उलयताले. ही कार्यावळ पणजेच्या बालभवन सभाघरांत जाली. शिक्षण संचालनालय, हवामान बदल संचालनालय तशेंच उच्च शिक्षण संचालनालायाच्या जोड पालवान ही कार्यावळ आयोजित केल्ली. आयोजित केला होता. पर्यावरण जरी तुमकां परवडटा पूण ह्या पृथ्वीक परवडना अशें जगणें जगू नाकात अशें सोळंकी हांणी मागले . शिक्षण संचालनाला याचे उपसंचालक मनोज सावईकर हांणी येवकार दिलो आनी निमणे सगळ्यांचे उपकार मानले.

<u>अनुरागसिंग ठाकूर</u>

भारताची लोकसंख्या, मुळाव्यो सुविधांचो विचार केलो जाल्यार 2036 वर्साच्या ऑलींपीक यजमानपदाचो मान भारताकूच मेळपाक जाय. फुडले वर्सा भारत आयोजना खातीरची बोली (बीड) सादर करतलो, अशें आदले केंद्रीय खेळा मंत्री आनी खासदार अनुरागसिंग ठाकूर हांणी सांगलें.हडफडे हांगा संवसारीक पावंड्यावेली फिडे बुद्दिबळ सर्त सुरू आसा. हे सर्तीक भेट दिले उपरांत तांणी पत्रकार परिशद घेतली. 1.4 अब्ज लोकसंख्या आशिल्लो भारत चौथी अर्थीक महासत्ता आसा. अर्थवेवस्थेत भारत आता तिसऱ्या सुवातेर पावतलो. खेळ तशेच हेर मळार नव्यो सुविधा जायत आसा. भारतीय ऑलिंपिक संघटणा फुडले वर्सा 2036च्या ऑलिंपिका खातीर बोली

मागयतली. भारत बोली सादर करतलो आनी भारताक यजमानपद फावो जातलें.खेळा खात्या खातीरची अर्थसंकल्पी तजवीज 86 कोटीवेल्यान 3400 कोटींचेर पावल्या. खेळा वाठारातलो खर्च 600 कोटी वेल्यान 3 हजार कोटींचेर पावला. देशात 1100 खेलो इंडिया केंद्रा आसा, अशें तांणी सांगले.